**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक गोंय घटक राज्य दिसानिमतान परबीं**

ता. 29 मे 2025

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंय घटक राज्य दिसानिमतान गोंयच्या लोकांक परबीं दिल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गोंय घटक राज्य दिसाच्या ह्या म्हत्वाच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या प्रत्येक नागरिकाक म्हजी काळजासावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता, गोंय घटक राज्य दिसाची समस्त गोंयकारांक खुशालभरीत परबीं.

गोंय घटक राज्य दीस हो आमच्या राज्याच्या कीर्तवंत इतिहासातली म्हत्वाची घडणूक जावन आसा. 1987 वर्सा ह्याच दिसा गोंय भारतीय संघराज्याचे 25 वे राज्य जालें. घटक राज्याची वाटचाल दीर्घ आनी आव्हानात्मक आशिल्ली. गोंय परकीय राजवटीतल्यान डिसेंबर 1961 त मुक्त जाल्ले आसले तरी गोंयची वेगळी वळख दवरप वा शेजारच्या राज्यांत विलीन करप हो मुखेल प्रस्न आशिल्लो. 1967 वर्सा जाल्ल्या जनमत कौलाच्या निर्णया वरवीं गोंयची खेरीत आनी स्वतंत्र वळख राखपाची लोकांची इत्सा पुर्ण जाली. 30 मे 1987 हो दीस गोंयची खेरीत वळख राखपा खातीर गोंयकारांनी केल्ल्या चळवळीचो सन्मान जावन आसा. घटक राज्याचो दर्जो फावो जाल्ल्यान गोंयकारांचे दीर्घ काळाचे स्वप्न खऱ्या लोकशाय भावनेतल्यान पुर्ण जाले. राज्य घटनेन गोंयच्या लोकांक हक्काची अस्मिताय आनी आपलो स्वताचो फुडार घडोवपाची संद दिली.

ह्या खास प्रसंगार आमी ह्या इतिहासीक घडणूकेक योगदान दिल्ले फुडारी, बुदवंत आनी नागरिकांचो आदरान उगडास करूया. तांच्या प्रयत्नांतल्यान घटक राज्याचे स्वप्न सत्यात आयले आनी आमच्या राजकीय इतिहासात नवो अध्याय सुरू जालो.

आयज गोंय हे आधुनिक, फुडारलेले राज्य जावन आसा. आपली प्रगतीशील तत्वां आनी आदरातिथ्या खातीर गोंयकारांची वळख आसा. शांतीकाय, सामाजीक सलोखो आनी सैमीक सोबितकायेक लागून गोंय हे म्हत्वाचे पर्यटन स्थळ जाल्ले आसा. गोंय हांगाच्यो दर्यावेळो, धार्मिक स्थळां आनी वास्तुकलेच्या वारशा खातीर फामाद आसा. अस्तंत घाटाच्या रूपान गोंयांक समृध्द जैविकविविधताय लाभिल्ली आसा आनी ह्या जैविकविविधतायेक संवसारीक वळख फावो जाल्ली आसा.

गोंय राज्यांन फाटल्या दशकांनी शिक्षण, भलायकी, साधनसुविधा अशां म्हत्वाच्या क्षेत्रांत तोखणाय करपा सारखी उदरगत केल्ली आसा. गोंय आयज लोकशाय तत्वांक पाळो दिवन "कर्तव्य काल" भावनेतल्यान वावर करता आनी विकसीत, समृध्द आनी आस्पावित राष्ट्र-विकसीत भारत निर्माण करपा खातीर योगदान दिता.

गोंय हे देशांतले एक ल्हान राज्य आसले तरी per capita income बाबतीत देशांतले दुसऱ्या क्रमाकाचे राज्य जावन आसा. उत्तर-दक्षीण आनी शारी-ग्रामीण वाठारांनी आस्पाविल्ले गोंय रस्ते, रेल्वे, विमान आनी दर्या मार्गान जोडिल्ले आसा.

मुळाव्या पांवड्याचेर क्षयरोग (टीबी) तपासणी करपा खातीर 2020 सावन NAAT मशीन तपासणी सुविधा सुरू करपी गोंय हे भारतातले पयले राज्य आसा. भलायकी आनी कुटुंब नियोजनाच्या मळावयल्या प्रगती खातीर 7 व्या जेआरडी टाटा मेमोरियल परिशदेत गोंयांक उत्कृश्ट प्रगती करपी राज्याचो पुरस्कार फावो जाला. आयुषमान भारत डिजिटल मिशनाखाला राष्ट्रीय भलायकी यंत्रणेच्या "100 Microsites Project" ह्या प्रकल्पाची अंमलबजावणी करपी पयल्या तीन राज्यांमदी गोंयचो आस्पाव आसा.

भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक अधिकारिणीच्या राज्य अन्न सुरक्षा दर्शकांत ल्हान राज्यांमदी गोंयांक सेगीत पाचव्या वर्सा पयली सुवात फावो जाल्ली आसा.

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 ची कार्यक्षम अंमलबजावणीची खात्री करपा खातीर गोंय राज्य शालेय शिक्षण मोलावणी आनी प्रमाणिकरण अधिकारिणीची स्थापणूक करपी गोंय हे पयले राज्य आसा. राष्ट्रीय शिक्षणीक संस्थां क्रमवारीत गोंय फार्मसी म्हाविद्यालयाचो भारतातल्या 100 फार्मसी संस्थांमदी आस्पाव जाता.

ISO प्रमाणीत कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालय आशिल्लें गोंय हे एकमेव राज्य आसा. खेळां मळावयल्या साधनसुविधांनी म्हत्वाची गुंतवणूक केल्ल्यान येणाऱ्या काळांत गोंय हे खेळांचे मुखेल हब जावपाक पावतले. अभिमानाची गजाल म्हळ्यार गोंय राज्यान साधनसुविधांच्या मळार सडा ते वरूणापूरीक जोडपी पयलो कर्वड केबल स्टेड पूल, गोंय आंतरराष्ट्रीय विमानतळ अशें म्हत्वाचे प्रकल्प पुर्ण केल्ले आसा.

दिव्यांग व्यक्तिंच्या कल्याण खातीर स्वतंत्र विभाग सुरू करून दिव्यांग व्यक्तिंच्या सशक्तिकरणाची खात्री दिवपी गोंय हे पयले राज्य आसा. NITI आयोगान प्रकाशीत केल्ल्या शाश्वत विकास उद्दीशठां दर्शक 2024 प्रमाण गोंयान आपलो 4 थो क्रमांक राखून दवरला आनी पयल्या वर्गात सुवात मेळयल्या.

2021 त गोंयचे राज्यपाल म्हूण पदभार सांबाळीत सावन गोंय राज्यांतल्या वाठारांनी अनेक यात्रा केल्यो. गोंय ग्राम संपुर्ण यात्रा, गोंय सैमीक दायज यात्रा, द्विप परिचय यात्रा आनी गोंय गिर्यारोहण यात्रा करून लोकांकडेन संवाद साधलो आनी तांच्यो अपेक्षा जाणून घेतल्यो.

गोंयांत हालीच घडिल्ली वायट घडणूक आनी देशान शिमेचेर तोंड दिल्ल्या आव्हानांच्या अनुरोधान हांवे "खुशाल कल्याण यात्रा" नावान नवीन उपक्रम जाहिर केलो. ह्या यात्रेचो भाग म्हूण हांवे श्री अनंत पद्मनाभ देवस्थान, सावईवेरे, श्री म्हाळसा नारायणी देवस्थान, म्हार्दोळ आनी राशोल सेमिनारी, मडगांव हांगा भेट दिवन शांतिकाय, खुशालकाय आनी सगळ्यांच्या कल्याणा खातीर प्रार्थना केली.

इतिहासीक आनी म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार गोंयच्या राजभवन उद्यानात उबारिल्ल्या आयुर्वेदाचे जनक आचार्य चरक आनी शस्त्रक्रियेचे जनक ऋषी सुश्रुत हांच्या पुतळ्यांचे अनावरण करून तांका आदरांजली ओपली. वामन वृक्ष कला (बोन्साय) उद्यानात आचार्य चरक आनी ऋषी सुश्रुत हांचे ब्राँझ धातूचे पुतळे बसयल्यात. वामन वृक्ष कला उद्यानात 1008 प्रकारची झाडां आसून सरकारी सुवातेत तयार केल्ले भारतातले हे सगळ्यात व्हड उद्यान आसा. भारताचे उपराष्ट्रपती श्री. जगदीप धनखड हांचे हस्तुकीं राजभवन उद्यानात आयुर्वेदाचे जनक आचार्य चरक आनी शस्त्रक्रियेचे जनक ऋषी सुश्रुत हांच्या पुतळ्यांचे अनावरण जाले. आचार्य चरक आनी ऋषी सुश्रुत हांच्या वैजकीय शास्त्रातल्या योगदानाचो सन्मान करप आनी भारताचो समृध्द वैजकीय वारसो जतन करप हो ह्या उपक्रमाचो उद्देश जावन आसा. तशेंच उद्यानात पुरातन आयुर्वेद उपचार पद्दतींची म्हायती प्रदर्शीत केल्ली आसा.

ह्या उमेदीच्या प्रसंगार आमी गोंयचो उत्साह आनी खुशालकाय मनोवया. गोंय हे ह्या फुडेंय सपनां साकार जावपाची सुवात जांव, जंय प्रत्येक नागरीक आपली तांक वळखूपाक सशक्त आसतलो आनी लोकशाय, स्वातंत्र्य आनी न्यायवेवस्थेची मुल्यां मजबूत जातली. आमच्या उज्ज्वल भविश्याखातीर आमी एकवटान प्रयत्न करूया, जेणे करून गोंय प्रगती, ज्ञान आनी सलोख्याचे आदर्श उदाहरण थारतले.

गोंय घटक राज्य दिसाच्या ह्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव परत एकदा गोंयच्या लोकांक काळजासावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता. विकसीत गोंय आनी विकसीत भारताचे व्हिजन पुर्ण करपा खातीर आमी एकजूट, निर्धार आनी अभिमानान वावर करपाक समर्पित जावया.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/494

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.